04.02.2025 6.30 pm

<u>220 मोदी</u>

आपल्या सरकारान गरीबांच्या कल्याणा खातीर जायते उपाय केल्यात, जाका लागून 25 कोटी लोकांक गरिबींतल्यान भायर काडल्यात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. हे फकत ह्या सरकाराच्या वचनबद्धतेन, समर्पणाक आनी कश्टाक लागून हें शक्य जालां अशें तांणी सांगलें. अर्थीक सुज्ञतेचे पालन करत सरकार उदरगती खातीर वावुरता अशें तांणी सांगलें. राष्ट्रपतीच्या अभिभाषणाचेर आयज लोकसभेंत जाल्ले चर्चेक प्रधानमंत्री जाप दिताले.

राष्ट्रपतीच्या  अभिभाषणाची तोखणाय करून प्रधानमंत्र्यान सांगलें, हें प्रेरणादायक आसा आनी विकसीत भारता खातीर सरकाराचे यत्न आनीक घटमूट करता. सरकारान घेतिल्ल्या उपक्रमांचेर भर दितना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, देशभरांत चार कोटी घरां गरीबांक दिल्या आनी 12 कोटी शौचालयां बांदल्यात, जाका लागून कोटी लोकांचें, खास करून बायलांचें जिवीत सोंपें जालां. जल जीवन मिशनांतल्यान गरीबांक 12 कोटी परस चड नळ जोडणी दिल्या, जाका लागून उदकांतल्यान जावपी दुयेंसांचो प्रसार खूब उणो जाला. आपल्या कार्यकाळांत भांडवल खर्चा खातीर अर्थसंकल्पीय तरतुदींत बरीच वाड जाल्या आनी ती 11 लाख 21 हजार कोटी रुपयां परस चड जाल्या अशें तांणी सांगलें. सरकारान प्रशासनांत पारदर्शकता हाडल्या, ताका लागून कोटी रुपयांची बचत जाल्या अशें तांणी सांगलें. लावार्थ्यांची वळख करून तीन लाख कोटी रुपया वाचयल्यात. मध्यमवर्गाक कर प्रोत्साहन दिवपा खातीर वेगवेगळीं पावलां उबारल्यांत, जाका लागून फाटल्या धा वर्सांत चड बचत जाल्या अशें तांणी सांगलें. हालींच सरकारान 12 लाख रुपया मेरेन येणावळ कर सुट दिवपाची घोशणा केल्या, हें मध्यम वर्गाची अर्थीक स्थिती घटमूट करपाचे दिकेन व्हड

पावल आसा अशें तांणी सांगलें. आपल्या सरकारान देशांतल्या तरणाट्यां खातीर नोकरीच्यो संदी वाडयल्यात अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें.

<u>65 सीतारामन</u>

सरकारन आज सांगले की, प्रधानमंत्री इंटर्नशिप येवजणे अंतर्गत, देशभरातल्यान उत्स्फूर्त प्रतिसाद मेळता. राज्यसभेतल्या पुरवणींक जाप दिताना, कॉर्पोरेट व्यवहार मंत्री, निर्मला सीतारामन हाणी म्हणले की, सरकारान आतापर्यंत देशातल्या सुमार 743 जिल्ह्यांत इच्छुक तरणांट्यांक वेगवेगळ्या पदांचेर इंटर्न म्हणून नियुक्त केल्यात. पायलट योजनेच्या सुरुवातीपासुन भागीदार कंपन्यांनी 1.27 लाख इंटर्नशिपच्यो संधी दिल्यात आणि 28 हजारांहून अधिक जानेवारीमध्ये सुरू झालेल्या दुसऱ्या टप्प्यात 80 कंपन्या वेगवेगळ्या क्षेत्रात इंटर्नशिपच्या संधी दित आशिल्ल्याचे तांणी सांगले

<u>85 वीज</u>

सरकारान सांगला की 2031-32 पर्यंत स्थापित वीज निर्मिती क्षमता 874 GW पर्यंत वाढोवपाची येवजण आसा. राज्यसभेत एका लेखी उत्तरात, ऊर्जा मंत्रालयातले राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक हांणी सांगले की, तातुंत कोळसो, लिग्नाइट सौर, पवन आणि उदक यांसारख्या नवीकरणीय स्त्रोतांसयत पारंपारिक स्त्रोतांपासून निर्माण जावपी वीज आस्पावता. राज्यमंत्रयान म्हणले की, सध्या स्थापित वीज निर्मिती क्षमता 462 GW आसा आणि देशात विजेची फाव तितली उपलब्धता आसा. भारत सरकारन एप्रिल 2014 पासून 230 GW उत्पादन क्षमता जोडून विजेच्या कमतरतेच्य गंभीर समस्येचे निराकरण केला आणि देशाक विजेच्या तुटवड्यापासून फाव तितले उर्जेत बदल केल्यात

<u>75 जितीन</u>

उद्योग आणि अंतर्गत व्यापार प्रोत्साहन विभागा (DPIIT) न मान्यता दिल्या स्टार्टअप्सची संख्या फाटल्या वर्षाच्या अखेरीक  एक लाख सत्तावन्न हजारा परस  चड जाल्या. लोकसभेत लेखी जाप दितना वाणिज्य आनी उद्देग राज्यमंत्री जितीन प्रसाद हांणी सांगलें, की 2016 वर्सा स्टार्टअप इंडिया सुरू जाले उपरांत सरकारान ताची प्रभावी अंमलबजावणी करपा खातीर जायते उपक्रम केल्यात.दुसऱ्या प्रस्नाक जाप दितना मंत्री प्रसाद हांणी सांगलें,की निर्यात प्रसार करपा खातीर विकेंद्री करणाच्या उपक्रमांचो एक भाग म्हूण देशभरांतल्या 590 जिल्ह्यां खातीर जिल्लो निर्यात कृती येवजण्यो तयार केल्यात.

<u>100 पांडे</u>

शाश्वत उदरगती खातीर म्हारगाइ चेर बरी पकड दवरपाचो अर्थ सचीव तुहीन कांता पांडे हांणी आवाहन केले. आयज नवी दिल्लींत असोचॅम हांणी आयोजीत केल्ल्या कर संबंदीत प्रस्तावांच्या विश्लेशणा विर्शींच्या अर्थसंकल्पा उपरांतच्या परिशदेंत संबोधन करतना पांडे हांणी ही टिप्पणी केल्या. केंद्रीय अर्थसंकल्प 2025-26 उदरगतीक चालना दिता आनी लोकांक फायदो जाता अशें तांणी सांगलें. दरेका क्षेत्रा खातीर अर्थसंकल्पांत सरकारान वेगवेगळे आदर्श समतोल दवरल्यात अशें तांणी फुडें सांगलें. अर्थीक आनी चलन धोरणां एकठांय काम करपाची गरज आसा हाचेरय अर्थ सचीवान भर दिलो. अर्थसंकल्पा वेळार जाहीर केल्ल्या भारत ट्रेड नेट बँको, निर्यातदार आनी कस्टम हांकां एकाच डिजिटल प्लॅटफॉर्माचेर जोडटले अशें पांडेय हांणी स्पश्ट केलें.